# राष्ट्रीय खबरो

Panaji National

Date : 06/07/**2026** 6.30 PM

Pm **71**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी थोड्याच काळापयलीं इंडोनेशियांतल्या जकार्ता शारांत पावले ताणी आपली तीन राश्ट्रांची भारत-पॅसिफिक भोंवडी सुरू केली. जकार्ता विमानतळार इंडोनेशियन अध्यक्ष प्रबोवो सुबियांतो हाणी तांका येवकार दिलो. ह्या भेटी वेळार प्रधानमंत्री इंडोनेशियाच्या अध्यक्षा कडेन द्विपक्षीय चर्चा करतले आनी भागीदारींत जाल्ले प्रगतीचो नियाळ घेतले. जकार्ता हांगा प्रधानमंत्री भारतीय प्रवासी लोकांच्या व्हड मेळाव्याक संबोधीत करतले. ह्या म्हयन्याच्या 8 ते 10 तारीख मेरेन प्रधानमंत्री ऑस्ट्रेलिएक जाल्यार 10 ते 11 जुलय मेरेन न्यूझीलंडाक भेट दितले.

Amit shah **108**

सुदारणां, डिजिटायझेशन आनी वेवसायीक वेवस्थापन हांचे वरवीं सहकार चळवळ, विस्ताराच्या नव्या पांवड्यार प्रवेश करता अशें सहकार मंत्री अमित शाहा हाणी आयज सांगलें. सहकार मंत्रालयाच्या पांचव्या बुन्याद सुवाळ्याक ते संबोधीत करताले. दरेका वाठारांतल्या बरी कामगिरी करपी पांच सहकारी संस्थांक मान्यताय दिवपा खातीर क्रमवारी आराखडो जाहीर केला. राज्यांनी आपणायल्ल्या मॉडेल उपनियमां वरवीं प्राथमीक कृशी पत संस्थांची कार्यावळ विस्तारीत करून तांकां घटमूट करपाचे यत्न चालू आसात अशे अमित शाहा हाणी म्हणला. byte

प्राथमीक सहकारी संस्थां सावन उंचेल्या संस्थां मेरेन वेवसायीक वेवस्थापन टप्प्याटप्प्यान लागू करप हें सरकाराचें ध्येय आसा अशें गृहमंत्र्यान सांगलें.

NHLML **78**

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी आयज नॅशनल हायवे लॉजिस्टीक मॅनेजमेंट लिमिटेडाचे पुनरावलोकन बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळ्ळे. देशभरांत विकसीत जावपी मल्टी-मोडल लॉजिस्टीक पार्क, रोपवे, इंटरमोडल स्टेशनां, आनी वे सायड सुविधांच्या प्रकल्पांच्या प्रगतीचें ताणी मुल्यांकन केलें. हे बसकेंत मंत्रीमंडळान फुडाराक तयार जाव्पी , येरादारी पर्यावरण यंत्रणा तयार करपाक ह्या परिवर्तनकारी उपक्रमांचें रणनितीच्या म्हत्वाचेर भर दिलो. ताणी प्रकल्प अंमलबजावणीचेर परिणाम करपी मुखेल आव्हानांचेंय मुल्यांकन करून बेगोबेग अडचणी सोडोवपाचे आनी प्रकल्पाची अंमलबजावणी बेगीन करपाविषयी सगळ्या संबंदीत भागधारकांक निर्देश दिले.

Ashwini Vaishnav 63

ह्या वर्सा भगवान जगन्नाथाच्या रथयात्रेखातीर 300 परस चड खाशेल्यो गाडयो चलयतले अशें रेल्वेमंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी सांगलां. नेमान चलपी 800 परस चड गाडयांमदी ह्यो अतिरिक्त गाडयो आसतल्यो. पुरी रेल्वे स्टेशनाचेर 30 हजार प्रवाशांक रावपाची तात्पुरती वेवस्था करतले अशें ताणी म्हणला

ह्या वर्सा ओणम उत्सवा वेळार रेल्वे शंभराकून चड खाशेल्यो गाडयो चलयतल्यो अशीय म्हायती अश्विनी वैष्णव हाणी पत्रकार परीशदेंत उलायताना दिली.

**रशिया उक्रेन 52**

रशियेन आयज सकाळीं युक्रेनांत राजधानी कीवचेर बॅलिस्टीक क्षेपणास्त्र हल्लो केल्ल्यान 10 जाणांक मरण आयलें जाल्यार शेचाळीस जाण जखमी जाल्यात. तुर्कस्तानांत जावपी नाटोच्या म्हत्वाच्या शिखर सभेच्या एक दीस आदीं ही गजाल घडली, जातूंत अमेरिकेचे अध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हाजीर रावपाचे आसात. ह्या हल्ल्यांत रशियेन बॅलिस्टीक क्षेपणास्त्रां, क्रूझ क्षेपणास्त्रां आनी ड्रोन वापरिल्ल्याचें युक्रेनच्या वायुसेनेन सांगलां.

**खेळ**

मेक्सिको शारांतल्या ॲसटेका स्टेडियमाचेर आयज मेक्सिकोचेर 3 आड 2 असो जैत मेळोवन इंग्लंडान फिफा विश्वचषक क्वार्टर फायनलींत प्रवेश केलो.

दुसरे सर्तींत ब्राझीलाचो खेळगडो नेमार हाणे काल रातीं फिफा विश्वचषकाच्या सोळाव्या फेरयेंत नॉर्वे आड हारल्या उपरांत आंतरराष्ट्रीय फुटबॉलांतल्यान निवृत्ती जाहीर केल्या.

**हवामान**

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसांत उदेंत राजस्थान, हिमाचल प्रदेश, कर्नाटक, केरळ, माहे, मध्य प्रदेश आनी उत्तराखंडांत खूब व्हड पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. मजगतीं, आसाम आनी मेघालयाचेर आयज एकसुरे सुवातेर उश्ण आनी दमट हवामानाची परिस्थिती पातळपाची शक्यताय आसा.

**इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो / आमचे फुडले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले - फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर.**